# Ashirvachana by H H Shrimat Sadyojata Shankarashrama Swamiji at Santacruz on the occasion of the Shishya Sweekar of H H Shrimat Parijnanashrama III Swamiji on 1st March 2008.

कर्णस्वर्णविलोलकुण्डलधराम्-आपीनवक्षोरुहाम्
मुक्ताहारविभूषणां परिलसद्-धम्मिल्लसम्मल्लिकाम् ।
लीलालोलितलोचनां शशिमुखीम्-आबद्धकाञ्चीस्रजम्
दीव्यन्तीं भुवनेश्वरीमनुदिनं वन्दामहे मातरम् ।।

आनन्दाश्रमशिष्याग्र्यं स्वानन्दाम्बुधिमज्जितम् ।
आनन्दाश्रमिणं वन्दे परिज्ञानाश्रमं गुरुम् ।।
ॐ श्रीगुरुभ्यो नमः
श्रीभवानीशङ्कराय नमः।

मस्त खुशी जात्त आस्स.भव्य कार्यक्रम सम्पन्न जाल्ले. महत्त्वपूर्ण कार्यक्रम हांग्गा सम्पन्न जात्त आस्सति, आजि एक महत्त्वपूर्ण दिवसु. तुम्गेलें थोडे कार्यक्रम carry forward जाल्लेलमितिं अजुनिकयिं तुम्मि पट्टाभिषेक् एकादशम उत्सवांतूचि आस्सति. आजि महत्त्व म्हळ्यारि शिष्यस्वीकारा दिवसु. आनन्दाश्रम स्वाम्यांनिं स्वाम्यांक स्वीकार केल्लें, धन्य जाल्लें आम्गलें समाज. केन्ना?... 1959 March 1st...I was always bad at Maths...कित्ल वर्सं जाल्लीं?...49...49th year चल्त आस्स. So, आत्तं 50th इयरांचे celebration, commemoration....सेलब्रेशनचि, गोम्टे रीतिने कोर्चे आस्स. आजि संकल्प घेंव्यां... संकल्प घेंव्चो आजि हॉ दिवसु, सम्पूर्ण समाजाक एक प्रासन्नतेचो एक अनुभव कोर्चो अधिकारु पुनः प्राप्त जाल्ला म्होणु आमि लेक्क्ताति. आनन्दाश्रम स्वाम्यांनिं आम्कां एक नीधि दिल्लि. माग्गेरि आम्मि आम्गल बुद्धिचो प्रयोग कोर्नु चिके

परिस्थिति वाय्ट् कोर्न घाल्लि. जाल्यारि गुरुंगल अनुग्रह केन्हायिं कम्मि जाय्ना. जाल्यारि, चुकि जाल्या म्होणु शिष्याने म्होण्का पड्ता. शिष्यु म्हळ्यारि सम्पूर्ण समाज. सम्पूर्ण समाजाने तें स्वीकार कोर्नु जें गुरुज्योति यात्रेंतु भाग घेत्लो...आम्का विश्वास म्होणु न्हयिं, आम्का गोत्तस्स... आम्गेलि ती क्षमा याचना स्वीकार जाल्या म्होणु. तान्तु जें एक आनन्दु सग्ळ्यांनिं अनुभव केल्लो, स्वाम्यांगल परत सान्निध्य शिरालींतु प्राप्त जाल्लें, सम्पूर्ण समाजाचेरि तश्शि आत्तं पुनः अनुग्रह सूरु जाल्यां, म्होणु मस्त दिवसानन्तर आय्चो दिवसाचो महत्त्व स्वाम्यांक आस्स जाल्यारि, आम्का तान्तु भाग घेंव्चो अधिकारु प्राप्त जाल्लो म्होणु आम्मि लेक्ताति. म्होणुचि मस्त खूशी जात्त आस्स. स्वाम्यांगलि महिमा, स्वाम्यांगलें पदे पदे निरीक्षण, मार्गदर्शनाचो स्पष्ट अनुभव आम्का थोडे वर्स पैलें धोर्नुचि जाल्लो. आत्तं, it is overwhelming. आनि प्रत्येक व्यक्तिकयि तें प्राप्त जात्त आस्स म्होणु तो अनुभव केन्ना सूरु जाल्ला १५ तारखेनन्तर, मन मस्त प्रसन्न जात्तस्स . खुशीऽ जात्तस्स. तुम्का सग्ळ्यांक अभिनन्दन हें दिवसाचेरि. स्वाम्यांगले अनुग्रह परम्परेचें म्होण्येद. मस्त बरें बरें कार्य जात्तस्स. लोकान्तु एक जागृति येत्तस्स. अनुष्ठानान्तु आनि प्रवृति पोळोनु, गुरुंक अर्पण कोर्चे एक सामग्री आस्स. सोमसूत्र इत्यादि आस्सचि, जाल्यारि लोकांगले निष्ठा भक्ति तें वस्तुतः आम्का संकेत कोरु जात्ता गुरुंक... अश्शि जात्तस्स म्होणु. गुरुंगले इत्लें अनुग्रह कि कल्लें जाल्यारि आम्का तान्नि सुरक्षित दवर्ल्यां. समाजा थाव्नु आम्का आम्गेल परम्परेचें or गुरुंगलें कल्लें एक credentials जांव्काति म्होणु नाति. आम्मि निम्गीनि, आनि निम्गूंचो प्रश्नु येना. श्रृंगेरी आचार्यांनिं 2005 ंतु शिराली मठान्तु आयिल तावळी, आम्मि केन्ना तांका वस्तुस्थिति सांग्ली, आम्का कल्लें वांट जाल्लें म्होणु सांग्लें, आनि स्वाम्यांक कित्ले वांट जाल्लेल म्होणु तेंवेंयिं

सांगनाफुडे,अत्यन्त गम्भीर जाव्नु तान्नि व्यक्त केल्लेलें, " ऐसे हि दो मठों में हुआ था, जहाँ मठाधिपति दु:खी होकर चले गए, बादमें उन्होंने समाधि ली ।उस मठ में, समाज में बहुत त्रास होने लगा । वे लोग हमारे गुरुजी के पास आए... " ... म्हळ्यारि कश्शि प्रायश्चित कोर्का इत्यादि सांग्लें . त्या वेळारि आम्मि कार्ला वोच्चो प्रसंगु आशिलो पैल फान्ता. तान्नी म्हळ्ळें, " अभि आप जो कर रहे हो, कार्ला जा रहे हो, वह बहुत हि अच्छा है । हम ऐसे ही प्रार्थना करतें हैं भगवती शारदाम्बा से, भगवान् चन्द्रमौलीश्वर से, ऐसे ही वे आपका मार्गदर्शन करें ", इत्यादि... तांगेली एक खूशी आशिली, पादयात्रे पैले तांका निमन्त्रण- intimation card- दिंव्च्याक आम्गल representatives वोचुले. मौनान्तु आशिलें ,जाल्यारि तान्नि तांगली खूशी प्रकट केल्लि. जाय्नाफुडेयिं तांका report कर्नाफुडे, अत्यन्त महत्त्वपूर्ण कार्य जाल्यां सग्ळ समाजा लेक्काने म्होणु, मस्त खूशी प्रकट केल्लि. बडे स्वामिजी ईश्वरानन्दगिरिजी महाराजांगले तरि तुम्का गोत्तास्सचि. तांगले अनुग्रह आस्स, आनि हें उपयुक्त कार्य जात्त आस्स, long pending आश्शिलें, जाल्लें, म्होणु तांगलेयिं एक आम्का अनुग्रह आस्स. स्वाम्यांगल अनुग्रह, तांगले रक्षणाच पैलें अनुभव जाल्लो, माग्गेरि तांगल एक वात्सल्याचो अनुभव जाल्लो. आनि आत्तं very strict मार्गदर्शनाचो अनुभव जात्त आस्स, तान्तु खूशी जात्त आस्स. कल्या म्हळ्यारि participation वाड्ता. तांगल इत्ल अनुग्रह की आम्का लोकांगले मस्त प्रेम मेळ्ळो हॉ... आनि मेळ्त आस्स तांगल अनुग्रहानेचि. आम्का कोणयिं आम्गल spiritual maturity विषयी प्रश्न कर्नी. कनडक घाल्नु घेत्ल्यारि सुद्धांयिं, to prove at least my chronological maturity,तान्तुयिं प्रशंसा जाल्लि. आजि स्वाध्यायु कश्शि जाल्लो म्होणु निम्गिल्यारि, normally भजन गॉम्टॅ जाल्लें म्हणताति.आत्तं

कनडक गॉम्टॅ दिस्ता म्हणतातित. So, तश्शि कस्लें कम्मि की, कस्लें बरें की, सग्ळे गुण अवगुण घेव्नु, गुरु आण्णालें कार्य कोरोनु घेत्ता ताज्ज अनुभवु माक्का जात्त आस्स. तश्शि विश्वासु दवोर्नु कार्य कोर्चे आस्ता. कोपु आस्स वे...जाय्द. अन्याय सहन कोर्नाका. दुष्टता आस्स मठान्तु, सहन कोर्नाका. तो कोपु थयिं प्रयोगु करी. तश्शि तीं मार्गदर्शन कर्तातित, तश्शि शुद्धि हाडय्तातित. म्होणुचि गुरु मुखारि आम्मि भो बरें आस्सति म्होणु दाखोंका म्होणु ना. जें आस्स तश्शि हांव आस्स, तूं पूर्णतया स्वीकार करी म्होणु सांग्चें तित्ली प्रार्थना कोर्चि आस्ता. तित्ल केल्लें वें...they take charge. So, तश्शि जात्त आस्स, आनि आम्का परत एक अधिकार मेळ्ळा तांगल आनन्दान्तु भाग घेंव्च्याक. So, हॉ महत्त्वपूर्ण दिवसू. महत्त्वपूर्ण दिवस आश्शिल्मितिंचि तुम्मि हें जे एक दिंव्चें आशिलें दॅवाले पूजे खातिर, आनि ट्वेन्टी सिक्स्ताक दिंव्क्याक जाय्नीं , आजि सग्ळ तयार जाल्लें आनि प्रस्तुत जाल्लें.
(नमः पार्वतीपतये हर हर महादेव...in the background)
ट्वेन्टी सिक्स्ताक विलक्षण कार्यक्रम जाल्ले, परिज्ञानमय जाल्लें वातावरण. तें नृत्य आस्सो, आम्मि स्तुति केल्लेलि आस्सो, तें last भजन आस्सो, स्वाम्यांगल सान्निध्य... स्वाम्यांगल सान्निध्य म्हळ्यारि परम्परेचें सान्निध्य. Please remember, बिगाहातु तांत्ल्याग्गि आस्स, स्वाम्यांगलाग्गि आस्स. तांगल अनुग्रह ना जाल्यारि, तुम्मि परिज्ञानाश्रम प्रथम स्वामी, साक्षात् भवानीशङ्करु, आनन्दाश्रम स्वामी, कोणालि प्रार्थना केल्ल्यारि, एक अनुमोदन मेळद...अनुग्रह प्राप्त जाय्ना.आम्का कोणाकयि प्राप्त जाय्ना. तांगल अनुमति आस्ल्यारि मात्र मेळ्ता. So, तें आत्तं मेळ्त आस्स.
वीर्यवत कार्य कोर्चें आस्स, एकाग्र जाव्नु तत्पर जाव्नु कोर्चें आस्स, सग्ळें समाज सज्ज जाल्यां, तयार जाल्यां, मस्त खुशी जात्ता. थोडीं

course corrections आनि हाड्का पड्तलिं. तित्ल हॉड वैभवारि कर्तना आम्कां स्टेजारि बैसनाफुडे लोक दिस्ताति. तावळी दिस्ता, आनन्दाश्रम स्वाम्यानिं जें सांग्गिलें, तें घेव्नु खंच्चे समाजांतुलीं परिज्ञानाश्रम स्वाम्यांगल maturity विषयां आनि उल्लय्लीं...दोन हजार लोक हांगा उपस्थित आस्ताति कल्चरल् प्रोग्रॅम्सांक, तश्शि ११ सभेंथाव्नु representatives आस्तना - एक पन्नास मेळ्णाति एक दोन तास बैसुनु गायत्री जपु कोरुक? So we have a lot to do....So, आत्तं एक स्वीकार केल्ल्यां, we have just taken a step ahead, म्होणु म्हण्येद.

आनि माग्गेरि, मार्गदर्शन प्राप्त कोर्नु मुखारि वोच्यां. आनन्दाचो दिवसु, कल्लें दु:ख, कल्लो क्लेष पांव्का म्होणु ना. जाल्यारि मार्ग स्पष्ट आस्का, दृष्टि vision...आनि तशीचि आम्मि मुखारि वोच्का पड्तले. So participation दाल्यांगले चिके चड् जांव्का जपान्तु आनि अनुष्ठानान्तु. तुम्च खातिर आम्मि मस्त युद्ध कर्त आस्सति...तुम्का गोत्तस्स की?... कित्लकी lettersयेत्ताति...बाय्लांनीं कल्याक गायत्री जपु कोरुनज्ज म्होणु.प्राय: कागद बरय्तना तांका कस्लें गोत्ना इंडियान्तु कस्लें जात्त आस्स महोणु. So, आम्मि सांग्का पड्ता की मातृवर्ग इत्ल कर्तस्सती, इत्ल अनुष्ठान कर्तस्सती...जागृति येत्ता, मुखावेले पीढी खातिर बरें. जाल्यारि आत्तांचे लोकानीं बैसुनु कोर्का न्हेवे? So तेवेंयिं चिके वाड्डयाति,संकोच कोर्नाकाति, मस्त उल्लोव्नु जाल्यां, एक social pastime म्होणुयि जाल्यां निन्दा कोर्ची, आत्त स्तुति... ही कराति. जप कराति. व्हयि कि ना?...तुम्मीचि पळयाति खंच्चान्तु कित्लें participation जात्ता मठा ऍक्टिविटीजान्तु. दोन तास न्हयि जाल्यारि एक तासु. नव्व घंटयारि सुद्धांयिं तुम्कां हांग्गा उपस्थित जाव्च्याक जाय्ना?... पन्नास लोक मात्र you could provide for one गायत्री

अनुष्ठान?...आत्त आम्मि चिके विडियो आनि काड्ताति. कोण कुरुणी काड्ता तेंवेंयिं कळ्ता.
चिके सतर्कतायि येत्त आस्स तुम्च्यान्तु आत्तं. Take that opportunity now....घार बैसुनु नीद येत्ता, हांग्गा एक तासु बैसुक शिक्काति...घारा आरामशेरि एक पांच मिनिटं, पन्ध्रा मिनिटं बैसुक जात्तलें. So, तश्शि अत्यन्त सतर्क जाव्नु आम्मि आत्तं कार्य कोर्का. तावळी मुखावेल वरस 50th आम्मि जें एक celebration, not commemoration....celebration कोर्चें आस्सति शिष्यस्वीकाराचें...... in 2009, तें विजृम्भणेन जांव्का.
आनि कल्लें सांग्चे तुम्कां?... बरें कार्य जात्तस्स, निष्ठेन कोर्यां. तुम्गेली निष्ठा जागृत जाल्या. तुम्गल दॅव सग्ळे जागृत जाल्याति.आम्मि मूलस्थानाचे विषयीं जें निम्गिताति, कोणे थंयिं पूजा आनि करय्ल्या, कोणे थंयिं केल्या...तांगल जीवनान्तु, परिवारान्तु कित्लें परिवर्तन आय्ल्यां, तांका निम्गियाति. So, गुरुंगल अनुग्रह सूरु जात्ता म्हळ्यारि, एक अशीचि हें बरें जावो म्होणु तित्ल मात्र न्हयिं. कोरोनुयि दित्ताति बरें. त्यो दिव्य शक्त्यो ज्यो आस्सति, तुम्गेलीं म्हाल्गड्यानिं पूजा आनि केल्लेलिं त्यो जागृत जाल्यान्ति. तुम्गेलें एक आध्यात्मिक जी personal उपासना आस्स, तान्तु तीव्रता हाडाति, आनि सतर्क जाव्नु कार्य कोर्चें...हॉ एक आम्मि संकल्पु घेंव्यां, गुरुचरणीं अर्पण कोर्यां. ताज्जानेचि तीं संतुष्ट जात्ताति. तांगल वात्सल्य, तांगल ती एक शक्ति म्हणताति, ताज्जो तनिक सुद्धांयिं अनुभवु जाल्यारि आश्चर्य जात्ता. आनि आनि जांव्का म्होणु केन्ना आम्मि निम्गिताति, तावळी एक पात्रता वाड्डोंका आम्मि. तो प्रयासु एक निश्चितरूपेण, in a focused manner कर्ताति म्होणु, हांव प्रतिज्ञा घेत्तां. तुम्गल लेक्कानयिं हांव घेत्ता, आनि तुम्मि सग्ळ्यांनिं घेंव्का पड्तली गुरुचरणीं.

एक सान भजन कोर्यां. आजि पाल्खी उत्सव जांव्च आस्स. पाल्खी उत्सवान्तु भाग घेंव्का लोकांनिं. जो आनन्दु, विजृम्भण तुम्मि ट्वेन्टी सिक्स्ताक केल्लें, ताज्ज पेक्षाहि मस्त चड आजि जांव्का. खंच्च भजन कोर्यां? भजनमण्डली? ...गुरुमहिमा?...ऐसा गुरु माझा कोर्यां वे?...कोडिकल गौरंग माम आस्स की?...आम्गल ताळ म्हळ्यारि ताक्का anticipate कोर्नु तब्लो वाज्जोंका पड्त कि ना... ऐसा गुरु माझा...भक्त हो... ऐसा गुरु माझा...संजीवनी समाधि स्थळी...गुरुकृपा विकसली...आत्तं सर्वत्र विकसली...शिराल्यामपि विकसली...शिरालींतुयिं विकसित जाल्लि. नाशिली म्होणु न्हयिं, जाल्यारि समाजाने स्वीकार केल्यां स्वाम्यांगल अनुशासन, अनुमोदन, अनुग्रह म्होणु. अर्पण कोर्यां ही प्रार्थना गुरुचरणीं.

ॐ नमः पार्वतीपतये हर हर महादेव !